**Madari & Manganna (Grant Road)**

खंचेयी काम कोरूक गॅल्यारी
ॲक्का दोनी करता
घासमारगोंधळांतूची आमगेलॉ
वेळु वॅर्थ जात्ता
जीवनाची गाडी कॅद्नायी
वांकडी तिंकडी व्हरता
हें वाऽनर आमका इत्या अश्शी छळता ?

अभ्यास कोरूक बश्शिलॅ वॅळारी
खॅळा उगडासु करता
खेळूक वेळु मॅळळॅ ताव्वळी
ऑन्लाय्न वच्चुक सांगता
जॅवणावॅळारी जेंवचॅ सोण्णू
टीवीरी लक्ष कान्नारी फोनू
मस्त राती जाल्ली तरी
निद्दंवच्याक दीना
हें वाऽनर आमका इत्या अश्शी छळता ?

होमवर्कांतुलॅ मिस्टेक्स पळव्नु
टीचर पनिश करता
कस्लेंयी धऽड समऽ ना म्हुणु
आम्माली गौजी मॅळता
वेट वाडल्यां डॉक्टर सांगता
आळशी खॉड पप्पा म्हणता
कोरचॅ कस्लॅ हॅंची कळना
भय्य मात्र दिस्ता
हें वाऽनर आमका इत्या अश्शी छळता ?

कॉणयी पुणी येंव्का
आम्गेली सुटका कोरका
धैर्य बुद्धी ज्ञान शक्ति
युक्तिनॅ आमका दिंव्का
हया वाऽनराक धोर्नु
हातोटींतु हांण्णू
आमका
‘बुद्वंऽत पॉर’
कोरका ऽऽऽऽऽ

(A madari enters with his monkey, the group is astonished to see the monkey obediently following his master)
मदारी ः मंगण्णा  मंगण्णा खेळू दाक्कयतलॉ
मंगण्णाः दाक्कयतां ऽऽऽ
मदारी ः मंगण्णा  मंगण्णा सलाम करतलॉ
मंगण्णाः करतां ऽऽऽ
मदारी ः मंगण्णा मंगण्णा नांचु करतलॉ
मंगण्णाः करतां ऽऽऽ
मदारी ः मंगण्णा  मंगण्णा कुस्ती करतलॉ
मंगण्णाः करतां ऽऽऽ
(all clap)
ः बरो नशिबवाऽन आस्स हॉ
ः हागेलॅ वानर बुद्वऽन्त जाव्नु तान्नॅ सांगिलॅ सगळॅ कश्शी आयकता ?
ः ताक्काची विचारयां
ः व्हयरॅ तुगलॅ वानर तुगलॅ ताब्यांतु कश्शी वरता ?
मदारी ः ताक्का वानर म्होण्णाकाती
ः तरी कस्लॅ म्होणका सायबा ?
मदारी ः मंगण्णा . तागेलॅ नाव मंगण्णा
ः बरॅ बरॅ . तरी तुगलॉ हॉ मंगण्णा इत्लॉ बुद्वऽन्तु कश्शी ?
मदारी ः म्हळयारी ?
ः तुगेलॅ सांगातीची आस्ता

ः तुवॅ व्हॅल्लॅलॅ कडॅ वत्ता
ः तुवॅ सांगिलॅ आयकता
ः कॅद्नायी त्रासु दिना तॉ तुक्का ?
मदारी ः ना .तागेलॅ मितीची माक्का सुखांतु राब्बुक जात्ता
ः कस्लेंयी वांट नातीची तुक्का ?
मदारी ः अजिबाऽत ना
ः भोऽऽऽ लक्की रॅ तु
ः आम्मी मात्र अन्लक्की
ः आम्मॅलॉ मंगण्णा आम्काची नांचयता
ः धोरूक गॅल्यारी चाबता सोण्णु दिल्यारी धांवता
ः कोरचॅ वट्टु तान्नॅ वायट जांवचॅ आम्मी
ः ए तुगेलॅ सीकरेट सांग नै
मदारी ः माक्का इत्तॅ गोत्तु तॅ
ः भाव खात्ता पळॅ

(all come together and collect sweets, chewing gums etc. for him)

ः हॅ वट्टु तुक्काची
ः आत्त पुणी सांग नै प्लीऽऽज
मदारी ः आरे हाज्ज्या . माक्का खरेंची गोत्तु ना म्हाराय्या
ः माग्गेरी ताक्काची निमगी
मदारी ः अश्शी म्हणता . जायद निमगुव्यां

मदारी ः मंगण्णा मंगण्णा खेळू दाक्कयतलॉ
मंगण्णाः दाक्कयतां ऽऽऽ
मदारी ः मंगण्णा मंगण्णा सलाम करतलॉ
मंगण्णाः करतां ऽऽऽ
मदारी ः मंगण्णा मंगण्णा एक सांगतलॉ
मंगण्णाः सांगतां ऽऽऽ
मदारी ः खरेंची सांगतलॉ
मंगण्णाः सांगतां ऽऽऽ
मदारी ः तरी सांग
ः वानर जाव्नूयी तू इतलॉ बुद्वन्तु कश्शी **?**

मंगण्णाः

हांव एकु वानर म्हुणु केल्ली मदारीनॅ युक्ती
वानरश्रेष्ठ हनुमन्ताली दिल्ली माक्का भक्ती
सहज प्राप्त जाल्लॅ ताक्का
धैर्य बुद्धी ज्ञान शक्ति
मालक जाव्नुयी गोत्ला ताक्का
आस्स किना गम्मती

सर्व ः मंगण्णा मंगण्णा आमकायी सांग नै महावीर हनुमानाक प्रसन्न कोरची युक्ती
मंगण्णाः मगल्या बंधूजनांक मजल्यागी सॉडाती आनी निश्चिंत जाय्याती
(all leave their monkeys with Manganna and exit)

~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar I**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

ः केसरी आनी अञ्जनागेलॅ पुत्ररूपांतु रामाञ्जनेयानॅ जन्मु घॅतलॉ ॰
ः उपजतची दिव्य शक्ति प्राप्त आश्शिलॅ बालकागेल्यॉ बाललीला, विलक्षण आश्शिलतरी निष्पाप आश्शिल्यॉ ॰
ः मस्त फांता ताज्जॅ परिणाम विपरीत जात्तालॅ ॰
ः जाल्यारी बरॅ वायट परिणाम स्वीकार करतलॅ बालमनांतु, अधिष्ठान कस्ल्याचॅ आश्शिलॅं?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene 1: Hanuman Swallows the Sun. (Santacruz)**

Little Hanuman is sleeping, Anjana is about to leave to fetch water.

अञ्जनाः (affectionately looking at the child) चेरडु निद्दल्यां ताव्वळीची वच्चुनु आयलॅं बरॅ ॰ दॅवा मगल्या चॅरडागेलॅ रक्षण करी

Anjana leaves, after a while Hanuman wakes up. Feels hungry. Starts looking for food, doesn't find any. Looks upward, sees the rising Sun. Thinking the Sun to be a fruit leaps to get hold of it and swallows it. The solar system becomes darkened. Rahu arrives.

राहुः आजि ग्रहणाचॉ दीसु ॰ आयचॅ दीसु सूर्याक ग्रस्त कोरचॉ अधिकारू देवराज इन्द्रानॅ माक्का दिल्ला ॰ हॉ कोणू बालकु मद्देंतु आयलॉ?

Seeing Rahu, Hanuman marches towards him. Frightened, Rahu runs calling Indra.

राहुः हे देवराज इन्द्रा ॰ मगलॅ रक्षण करी ॰

Rahu goes away. Realising that the Sun was not a fruit, Hanuman releases the Sun. The solar system brightens up. Indra arrives.

इन्द्रः कोणु बालक तूं? अधिकार नात्तिलॅ क्षेत्रांतु आयलॉ कश्शी?

Fascinated by the elephant Airawat, Hanuman runs towards him.

इन्द्रः हॉ तरी मज्जॅची माक्षी लागला . सावधान बालक . लाग्गी येवनाका . नयी जाल्यारी परिणामु वायट जात्लॉ .

Hanuman is unaffected, continues his pranks.

इन्द्रः तुवॅ माक्का विवश कॅल्या . स्वसंरक्षणाक वज्रास्त्राचॉ प्रयोगु कॅल्लॅविना निर्वाहु ना .

Wields vajra towards Hanuman. Badly wounded, Hanuman descends and falls down. Vayu arrives, gets angry.

वायुः हे इन्द्रा मगेल्या निष्पाप बालकाचेरी तुवॅ इतलॉ होडु अन्याय कॅल्लॉ . हांव तॅ कदापी सहन करश्ना . हाज्जॅ प्रायश्चित सर्वांक कोरका पडतलॅ . हांव मगली गती राब्बयतां . पळवया तिनि लोक कशी सहन करताती तॅ?

All worlds suffer suffocation, Gods(Surya, Varun, Vishwakarma, Indra) run to Brahma.

देवः त्राहि त्राहि ब्रह्मदेवा . वायुदेवागेलॉ कोपु शांत जायनीजाल्यारी सृष्टीचॉ विनाश अटळ आस्स .

Brahma arrives. Hanuman is lying motionless on the lap of grieving Vaayu. Brahma pours holy water from his Kamandalu on Hanuman. Hanuman recovers. Vaayu's cools down, happy at Hanuman's recovery, says

वायुः हे ब्रह्मा पुत्रमोहांतु हांवॅ कठोर कृती केल्ली . क्षमस्व . मगली गती हांव पूर्ववत् करतां .

ब्रह्माः हे वायु तुगेलॉ बालकु इच्छेनुसार रूप धारण करतलॉ आनी मनोवेगानॅ संचार करतल तस्लॉ अद्वितिय महावीर जात्लॉ . हांव ताक्का ब्रह्मज्ञाना सांगाती चिरायु जांवचॅ वरदान दित्तां . ब्रह्मास्त्र आनी ब्रह्मपाशांतुल्यानॅ तॉ मुक्त आस्स .

सूर्यः हे बालक तुगेली इच्छा जात्तली ताव्वळी हॉ सूर्यदेव तुक्का संपूर्ण शास्त्रांचॅ ज्ञान दिवचॅ वरदान दित्तां . मगेलॅ शतांश तेज तुक्का प्राप्त जात्लॅं .

वरूणः मगलॅ वरूणपाश आनी जलाची तुक्का कॅद्नायी बाधा जायश्ना .

विश्वकर्माः हया विश्वकर्मानॅ निर्माण केल्लेल्या सर्व दिव्यास्त्रांनी तूं अवध्य जात्लॉ .

इन्द्रः हे बालक. मगलॅ वज्रानॅ तुगेली हनु भग्न जाल्ली . आजीधोर्नु तूं हनुमान या नावानॅ परिचित जत्लॉ . मगलॅ वज्रास्त्रानॅ तुक्का केद्नायी बाधा जायशना .

ब्रह्माः प्रिय हनुमान. सर्वांनी तुक्का माग्गनातिलॅं इत्लॅ वट्टु दिल्लॅ . तुगेलॅ मनांतु खंची इच्छा आस्स .

हनुमान ः प्रभु रामचन्द्रागेलॅ चरणकमलांतु माक्का निस्सीम भक्ति मॅळॉ हीची मगेली इच्छा .

~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar II**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- इन्द्रादिक देवांगेलॉ वर प्राप्त जाल्लॅल्या बाल रामाञ्जनेयाक, दिव्य शक्तिंचॅ विस्मरण जांवचॉ शापु, ऋषीगणांनी दिल्लॉ.
- श्रीरामसेवेंतु मात्र उचित समयारी ताक्का सर्व शक्तींचॅ स्मरण जात्तालॅं.
- उपलब्ध शक्तींचॉ प्रयोग श्रीरामागेलॅ कार्याविना अन्य खंयी जायनाशिलॉ.
- योग्य अयोग्य , उचित अनुचित , सर्वांचोयी विचार कोर्नु सम्यक कृती कोरचॅं ताक्का कश्शी साध्य जत्तालॅं ?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene II – Hanuman in Lanka (Bandra-Khar-Andheri)**

Sita in Ashokvan. On seeing Hanuman, Sita is scared.

हनुमानः हे जननी. मनांतु मगल्याविषयांतु कस्लीयी शंका हाण्णाक्का. हांव करूणानिधान श्रीरामागेली आण घेंव्नु सांगता, हांव प्रभु श्रीरामागेलॉ दासु पवनपुत्र हनुमान.तागेलॅ आदेशारीची हांव तुगेलॉ शोधु घेत्तची हांगा येव्नु पावलॉ. गुर्तु कोळूक ही प्रभुमुद्रिका मजल्यगी आस्स. (Gives the ring to Sita).

सीताः पवनपुत्र.तु अवश्य रघुनाथांगेलॉ दास आस्काज. तुज्जेरी पूर्ण विश्वास आस्स म्हुणु मजल्यागी पेटयलॅं.हे सुव्रत ! अश्शी कस्लेंयी करी की श्रीराम माक्का यथाशीघ्र हांगाथाव्नु घेंव्नु वल्लॅ. वियोग सहन करतची या निशाचरांमदद्देंतु कश्शी जीवंत राब्बु हांव ? (Sheds tears)

हनुमानः हे माता ! माक्का प्रभुआज्ञा आश्शिली जाल्यारी हांव आत्तंची तुक्का मगेल्या फाट्टीरी बस्सोव्नु प्रभुचरणांतु घेव्नु वत्तलॉ शिलॉ. जाल्यारी चिंतेक कारण ना. आत्त सर्वसमर्थ श्रीराम हांगा येव्नु राक्षसांक दण्ड दिव्नु तुक्का आदर आनी प्रीतिपूर्वक घेव्नु वत्तलॉ.

सीताः कपिवर ! तूं बल आनी शीलाचॅं निधान जाव्नु आस्स. तूं अजर,अमर जात्लॉ.

हनुमानः हे जननी. हांव कृतार्थ जाल्लॉ. मगलॅ जीवन आनी जन्म सफल जाल्लॅ.
(with hesitation) एऽक साऽऽनी इच्छा बाकी आस्स.

सीताः सांग बाळा .

हनुमानः या वाटिकेंतु विविध प्रकारांची मधुर फळं सर्वत्र दिस्त आस्सती . आज्ञा आस्ल्यारी चिके क्षुधा निवारण कोरचॉ विचार आस्स .

सीताः बाळा, तुवॅ फळं खांव्नु तृप्त जाव्नु वचका अश्शी मगलीयी इच्छा आस्स . जाल्यारी हांगा सर्वकाळ सशस्त्र सैनिक पहारा दित्त आस्ताती .

हनुमानः हे माता ! तुगेली आज्ञा आस्ल्यारी या असुरांगेली माक्का इत्याक चिंता ? .

सीताः वच बाळा, प्रभुस्मरण करतची यथेच्छ फलाहार करी .

हनुमानः जय श्री राम . (exit, blackout)

After meeting Sita, Hanuman thinks about his course of action before leaving Lanka.

हनुमानः सीतामातेगेलॅ दर्शन जाल्लॅ . हांवॅ लंकेतु येंवचॅ प्रमुख कार्य सिध्द जाल्लॅ . आत्त प्रभुरामचन्द्रानॅ रावणासांगाती युद्ध कोरचॅ निश्चित आस्स . जाल्यारी हांगाची तटबंदी मॉळेलॅविना आक्रमणाचॉ मार्गु मॉकळॉ जायश्ना . जाल्यारी तॅ कोरचॅ कश्शी . आस्सॉ. माक्का जाल्या जोरू भूक . ताव्वळी रूक्कारी चोण्णु फळं इत्याक खावनज्ज . हांव तरी वानरूची . थॉडे रूकइ मोण्णु घाल्यारी सै .तश्शी कोर्नुची या दुष्टांक उत्तेजित कोरका . म्हळयारी मुखावैलॅ काम ससार जातलॅं . सीतामातेगली अनुमती मेळया ...ताव्वळी जय श्रीराम . .

Hanuman climbs trees and starts the destruction. Many rakshasas try to fight with him. He defeats them one by one. Finally Meghnad comes.

मेघनादः दुष्ट वानरा. हया मेघनादागेल्या हातांतुथाव्नु वांची ना तुक्का .

After fierce fighting Meghanad is badly injured. At last he wields Brahmapasha.

हनुमानः हॉ तॅमॅ ब्रह्मपाशाचॉ प्रयोगु करत आस्स . माक्का साक्षात ब्रह्मदेवागेलॅ वरदानाचॅ कवच प्राप्त आस्स . जाल्यारी या दिव्य अस्त्राचॉ अवमानु कश्शी कोरूं . तागेल्या पाशांतु वच्चेंची योग्य . तश्शी कॅल्यारीची मूढ रावणाक मेळनु प्रभुरामचन्द्रागेल्या महतीचॉ परिचय कोरूक जाल्लॅं .

Taking Hanuman in captivity the rakshasas produce Him in the durbar of Ravan. Hanuman occupies a seat at a higher level than that of Ravana’s throne, using his tail (trick).

रावणः (with loud laughter) हांव कॉण म्हुणु गोत्तु ना वॅ तुक्का. तूं खंचॅ धैर्यारी इतलॉ उत्पात करत आस्स. कोणु तूं.

हनुमानः दासोऽहं कोसलेन्द्रस्य रामस्याक्लिष्टकर्मणः ।
निहन्ता शत्रुसैन्यानां हनुमान् मरूतात्मजः ॥

कॉण की संपूर्ण प्रकृतीक आश्रय जाव्नु आस्स. कॉणागेलॅ रोम रोमांतु कोटी कोटी ब्रह्मांड प्रतिक्षण निर्माण जत्ताती आनी नष्ट जात्ताती. कॉणालॅ शक्तिनॅ ब्रह्मा विष्णु महेश आपणागेलॅ कार्य करताती. कॉणागेलॅ कृपेमिती शेषनागाक पृथ्वी धारण कोरचॅ सामर्थ्य आस्स. कॉणॅ की तुज्जॅ असल्या राक्षसांक दंडित कोरूक अवतारू घॅतला त्या भगवान श्रीरामागेलॉ हांव दूत जाव्नु आस्स.

रावणः (in a derogatory tone) हं

हनुमानः हांव विनम्र जाव्नु सांगता. हे रावण. श्रीरामालागी वैरत्व तुगेलॅ नाशाक कारण जातलॅ. तुं जानकीक श्रीरामालागी घेव्नु वच. तॉ पराम कृपाळु भगवान तुका क्षमा करतलॉ. अभिमानु सोण्णु ताका शरण वच आनी लंकेचॅ राज्याचॉ निष्कंटक भोगु करी.

रावणः मृत्युदंड दिय्याती ताक्का.

विभीषणः महाराज. ॲक राजदूताक मुत्युदंड दिवचॅ अधर्म जात्ता.

Ravan is irritated at the suggestion.

रावणः मूर्ख वानरा. विभीषणानॅ आड्डायनी जल्यारी आजी तुगेलॉ मृत्यु खंडित आशिलॉ. बाल्लाक उज्जॉ लावनु धांवडायाती ताक्का.

Depiction of Lanka Dahan

~~~~~~~ ######### ~~~~~~~~
~~~~~~~

**Sutradhar III**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- राम रावण युद्धांतु श्रीरामाक वानरसेनेनॅ सहकार्य दिल्लॅं .
- रामाञ्जनेय सर्व वानरांक नेता जाव्नु आशिलॉ .
- लंकेरी आक्रमण कोरूक, सेतुबंधना अस्लॅ प्रचण्ड कार्य, वानरसेनेनॅ कोरचॅ निश्चित जाल्लॅं .
- साक्षात श्रीविष्णुनॅ, तागेलॅ कार्यांतु भक्तांगेलॅ सहाय इत्याक घेंवका, हाज्जॅं रहस्य रामाञ्जनेयाक कश्शी कळळॅं ?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene III -Setu Bandhan (Grant Road)**

Hanuman is addressing the Vanaras just before the ensuing activity of Setu Bandhan

हनुमानः परमभग्यवान् वानरांनो . दुष्ट रावणागेलॉ संहार कोरूक प्रभुरामचन्द्रानॅ लंकेरी आक्रमण कोरचॅ निश्चित आस्स . ताज्जॅ ॲकळाक या विशाल सागराचेरी सेतु बांधचॅ कार्य आम्मी सिद्ध कोरका . श्रीरामागेल्या केवल इच्छाशक्तिनेची राक्षसकुलाचॉ नाश जांवचॅ साध्य आस्स . तश्शी आसतनायी जगन्नियन्ता श्रीराम आनी निखिल भुवनाची स्वामिनी माता जानकी हांगल्या कार्यांतु निमित्त जाव्चॅ आमका भाग्य प्राप्त जाल्यां . रामनामाचॅ सामर्थ्य प्रत्यक्ष अनुभव कोरूक ही एक उत्तम संधी . कायावाचामनानॅ प्रयत्न कोरनु प्रभुचरणांतु सेवा अर्पण कोर्यां . आमगेलॉ जन्मु सफल जत्तलॉ . जय श्रीराम .

सर्व : जय श्रीराम .

Depiction of Setu Bandhan – song and dance

राऽम राम जय जय राम सियाराम
राऽम राम जय जय राम सियाराम

मुखांतु केवल नाम निरंतर
कार्यसिद्धिचॅ एकची साधन
सेवक आम्मी श्रीरामागेलॅ
नेता कपिवर हनुमान
जाल्लॅ धन्य जीवन

सेतुबंधन सेतुबंधन
बान्धवांनो मेळनु कोर्यां सेतुबंधन
सियावर रामचन्द्र की जय

रामनामाची अगाध महिमा
प्रचंड शीला करी तरण
विशाल सागर विनम्र जाव्नु
प्रभु चरणांतु गत शराण
करता तया वंदन

सेतुबंधन सेतुबंधन
बान्धवांनो मेळनु कोर्यां सेतुबंधन
सियावर रामचन्द्र की जय

रामरूपी अवतरलॉ
श्री नारायण भगवान
रामदूत हनुमान दित्ता
रामभक्तिचॅ वरदान
करता शक्ति प्रदान

सेतुबंधन सेतुबंधन
बान्धवांनो मेळनु कोर्यां सेतुबंधन
सियावर रामचन्द्र की जय

(Vanars exit. Ram enters alone, sees the grand setu in place)

रामः प्रिय हनुमान आनी वानरसेनेनॅ असाध्य कार्य सिद्ध कॅल्लॅ. तांगेली अनुशासित भक्ति आनी सेवाभावु युगांयुगांतु आदर्श जाव्नु वरतलीं. मनांतुलॅ क्लेष आनी दुख विरनु अत्यंत प्रसन्नतेचॉ अनुभव जात्त आस्स. प्हात्तरानॅ उत्कांतु तेल्लुव्येद इल्लॅ मगल्या नामांतु सामर्थ्य ? आश्चर्य दिस्ता. तश्शी जाल्यारी हांवे स्वतः उड्डयीलॅ प्हात्तराचॅ इत्तॅ जायद ?

Lifts a stone and places on the surface of water. Hanuman who has been observing from behind, enters.

हनुमानः बुडलॉ नवॅ ? हे प्रभो ! तुगेल्या नामाचॅ सामर्थ्य ही आमगेली भक्तांगेली सम्पत्ती. ताज्जॅ बलारीची आम्मी तुगेल्या सन्निधीन्तु सुरक्षित आस्ताती. तुवेंची सोण्णु दिल्यारी प्हात्तोरू कस्लॅ प्राणी कस्लॅ, बुडतलींची नवॅ ?

Vanars enter chanting Ramnam, Hanuman sits in Sevaka pose, Ram blesses all.

सर्वः राऽम राम जय जय राम सियाराम
राऽम राम जय जय राम सियाराम

~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar IV**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- लंका युद्धांतु मेघनादानॅ लक्ष्मणाक मूर्च्छित कॅल्लॅं .
- लक्ष्मणागेलॅ उपचाराक आवश्यक आश्शिली संजीवनी औषधी हाडचॅं असाध्य कार्य, रामाञ्जनेयाक सहज शक्य जाल्लॅं .
- जाल्यारी त्या कार्यांतु विदूषकांनी विघ्नं निर्माण केल्लीं .
- विघ्नांनी विचलीत जायनत्तिलॅं, ध्येय प्राप्ति कोरची कला, रामाञ्जनेयाक कश्शी अवगत आश्शिली ?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene IV - Hanuman brings Mritasanjivani from Himalaya (Vile Parle)**

Lakshmana is lies unconscious on the lap of grieving Ram.Hanuman, Vibhishan and Jambavan are also present.

रामः प्रिय लक्ष्मण . मगेलॅखात्तीरी जाव्नु तुंवॅ घर पत्नी आनी राज्य हया सर्वांचोयी त्यागु कॅल्लॉ . तुंवेची माका सोण्णू वचुगल्यारी हांव अयोध्येंतु खंचॅ तॉडानॅ वच्चूं . दॉळॅ उग्गडी . लक्ष्मऽऽण . दॉळॅ उग्गडी .

जाम्बवानः प्रभू अश्शी अधैर्य जांवचॅं कारण ना . कपिवर हनुमान, लंकेतु सुषेण नामक वैद्य आस्स . ताक्का आत्तंची आपव्नु घेंवका .

Hanuman leaves and returns with Sushena.

सुषेणः प्रणाम महाराज विभीषण . हनुमानानॅ मक्का निद्रावस्तेंतूची मगल्या घरासमेत उब्बारनु हाळळॉ . इतलॅं कस्लॅं संकट आयल्यां महाराज?

विभीषणः वैद्यराज, श्रीरामानुज लक्ष्मणाचेरी मेघनादानॅ ब्रह्मशक्तिचॉ प्रयोगु कोरनु ताक्का मूर्च्छित केल्यां . तागेलॅ प्राण वांचौवचॅं तुगेल्याची हात्तांतु आस्स .

सुषेणः माक्का क्षमा कोरका महाराज . जाल्यारी सद्य परिस्थितींतु तॅं साध्य आस्स म्हुणु

दिस्सना . धूर उत्तरेंतु द्रोणगिरी पर्वत आस्स . थंयीथाव्नु मृतसंजीवनी नामक महाऔषधी सूर्योदयाचॅ पैलॅं मॅळयारी मात्र उपचार कोरचॅ संभव आस्स . इतलॅ कमी वॅळांतु तॅं जांवचॅ अशक्यप्राय आस्स महाराज .

रामः लक्ष्मऽऽण...

जाम्बवानः महावीर हनुमान हांगा आस्तना खंचेयी सत्कार्य अश्यक्यप्राय ना . प्रिय हनुमान, श्रीरामागेल्या सेवेंतु तुगेलॉ पराकम दाक्कंवचॉ अवकाश तुक्का मॅळळा . तुगेलॅविना आनीकोणयी हॅं कार्य कोरूक योग्य ना . त्वरीत उत्तर दिशेक उड्डान कोर्नु पर्व तश्रेष्ठ हिमालयाचेरी वच . थंयी तुक्का ऋषभ आनी कैलास शिखरांचॅ दर्शन जाल्लॅं . तांचॅ मद्देंतु अत्यंत दीप्तिमान अश्शी द्रोणगिरी पर्वत आस्स . चारी दिक्कांक प्रकाशित करतलॅ तस्ल्यॉ औषधी तुक्का थयीं दिसतल्यॉ .

सुषेणः तांतुव्ल्यानॅ मृतसंजीवनी, विशल्यकारिणी, सुवर्णकरणी आनी संधानी अश्शी चारी औषधी हाडचॅ अगत्य आस्स .

Hanuman bows down to Ram and roars जय श्रीराम and leaps towards north. Scene change, Hanuman on Himalaya.

हनुमानः पर्वतराज हिमालयरी येव्नु हिरण्यगर्भ ब्रह्मागेलॅ स्थान, रजतनाभीचॅ स्थान , इन्द्रभवन, हयग्रीवागेलॅ वासस्थान तशीची ब्रह्मास्त्र देवतेगेलॅ स्थान हया सर्वांगेलॅ दर्शन जाल्लॅं . धन्य जाल्लॉ हांव . थंयी धूर दोनी शिखरांचॅ मद्देंतु एक दीप्तिमान पर्वत दिस्ता . हॉची द्रोणगिरी आस्काज . थंयी प्रस्थान कोर्या . (on reaching Dronagiri, sees that the illumination goes away) हॅं कस्लॅं? हांगायॅत्तची सर्व दीप्तिमान औषधी लुप्त जाल्लीं ? आत्त औषधी मेळतंली कश्शी? (in anger) माक्का औषधी मेळु नज्ज म्हुणु अश्शी कपट ? हे नगेन्द्र, श्रीरामाक सहाय करनाजांव्चॅ दुस्साहस कश्शी कॅल्लॅं तुंवॅ? हया रामदूत हनुमनागेल्या संकल्पाक तुगेल्या दुष्कृतीची बाधा जायश्ना . पळॅ आत्त मगलॅ बाहुबलाचॅ सामर्थ्य .

Hanuman lifts Dronagiri and brings it to the battlefield. Vanaras shout slogans and press his feet as if to serve him. Sushena treats Laxman and brings him back to life.

रामः हे महाकपी तुगेलॅमितीची आजी हांव मगेल्या अनुजाक स्वस्थ जाल्लेलॉ पळयतं आस्स . तुगेलॅ बुदि्धचातुय, शक्ति, पराकम आनी सेवाभाव अतुलनीय आस्सती . तूं अनुज भरतालॅ म्हणकेची माक्का अतिप्रिय जाव्नु आस्स .

All chant slogans सियावर रामचन्द्रकी जय पवनसुत हनुमान की जय .

~~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~~
~~~~~~~~~

**Sutradhar V**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

ः रावण वध कोर्नु विजयी श्रीराम अयोध्यापति जाल्लॉ .
ः सर्वत्र आनन्द आनी उत्साहाचॉ संचार जाल्लॉ .
ः रामदरबारांतु श्रीरामागेलॅ हस्ते वीर सेवकांगेलॉ सत्कार जाल्लॉ .
ः जाल्यारी श्रीरामानॅ या सत्कारांतुल्यानॅ, रामाञ्जनेयाक इत्याक वंचित कॅल्लॅं ?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene V - Hanuman breaks beads of necklace. (Goregaon)**

Royal court of Ayodhya, Rampanchayatan in place.
Ram gives away valuable gifts to a number of persons but excludes Hanuman.
Noting that, people discuss amongst themselves in the durbar.(in hushed tone)

ः एक खब्बरी लक्षांतु आयली वॅ ?
ः खंची ?
ः प्रभुरामानॅ सर्वांक उपहार दिल्लॅ
ः रावणागेलॉ नाशु कोर्नु, चौदा वर्सां वनवास भोग्गुनु , प्रभुरामचन्द्र सितेसांगाती अयोध्येंच्या सिंहासनारी बसला . हॉ दीसु विषेशची नवॅ?
ः तॅं व्हयी जाल्यारी हनुमानाक कश्शी विसरलॉ तॉ?
ः हनुमानानॅ इत्ली सेवा आनी मौलिक कार्य कॅल्लॅ, ताक्का उपहार ना?
ः आश्चर्य, श्रीरामागेलॅ हात्तानॅ इतली होडी चुकी कश्शी जाल्ली बा ?

सीताः (to self) प्रभुंगेली लीला माक्का ज्ञात आस्स . खंचॅ हेतुनॅ हनुमानाक उपहार दिने कि तॉ हेतु सिद्ध जांवचॅ अगत्य आस्स . हांवेंची कस्लेपुणी कोरका .पुत्र हनुमान अश्शी मुखारी यॉ .

Sita calls Hanuman and puts a precious necklace on him.

Hanuman bites the beads and minutely observes each one before throwing it away. All are perplexed. Some members from the court open their mouth. Ram observes the show smilingly.

ः हनुमान हॅ कस्लॅ करता तुं ॰
ः इतलॅ मौल्यवान मणी अश्शी वॅर्थ कोरनु घालनाका ॰
ः (in a suppressed voice) मण्यांचॅ मॉल कश्शी कळतलॅ ॰ कितलेंयी म्हळॅ तरी वानरऽची ॰

Unfazed, Hanuman continues his act. The mumbling increases- noticing that, Hanuman speaks.

हनुमान ः तुम्मी सवॅजण इतलॅ वायट इत्याक लेक्कुनु घॅत्ताती ॰ हांव हॅ मणी कित्लॅ मौल्यवान आस्सती तॅं पळयत आस्स ॰
ः कितलेंयी मॉल दिल्लॅ तरी मॅळश्नाती इल्लॅ मौलिक आस्सती तॅ ॰
हनुमान ः जाल्यारी मगेली मौलिकतेची परिक्षा विंगड आस्स ॰
ः मण्यांचॅ मॉल धनानॅ नयी जाल्यारी आनि कस्ल्यानॅ कोरचॅ?
हनुमान ः तांचॅभित्तरी श्रीरामागेलॅ दर्शन जात्ता कि ना हाज्जेरीची ताज्जॅ मॉल हांव पळयता ॰ तॅं नाजाल्यारी माक्का तााज्जॅ प्रयोजन ना ॰
ः म्हळयारी इत्तॅं तुगेलॅ भित्तरी श्रीराम आस्स वॅ? आसल्यारी दाक्कयी ॰ ना जाल्यारी या छातीचॅ वज्जॅ इत्याक घेव्नु भॉवता?
हनुमानः निश्चितची मगेल्या हृदयांतु श्री राम आस्स ॰ तुमका आत्त इद्दुर दिस्ता तितल्याची स्पष्ट स्वरूपांतु ॰

Tears his chest to show the presence of Ram & Sita.

~~~~~~~~ ######### ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar VI**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- रामावतार सम्पन्न जाल्लॅ उप्रान्तॅ चिरञ्जीवी रामाञ्जनेय सदैव नामस्मरण आनी रामध्यानान्तु मग्न जाव्नु आस्ता.
- खंऽयी रामनामस्मरण जात्ता की, थंयी रामाञ्जनेयागेलॅ अस्तित्व आस्ता.
- रामनामस्मरण जायनातिलॅ कडॅ रामाञ्जनेयानॅ वच्चॅं दुर्लभ.
- ताव्वळी महाभारत कालांतु, भीमागेली प्रत्यक्ष भेट घेंवच्याक तॉ इत्याक वचुगलॉ?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene VI -Bheema's Garvaharan (Powai)**

भीमः द्रौपदी कस्लॉ विचार करत आस्स?
द्रौपदी ः आजि सकाळीं हॅ फूल त्या दिशेनॅथाव्नु येव्नु पळ्ळॅ. इतलॅ मोहक सुगंध आश्शिलॅ फूल पैलॅ फांता पळयलॅ. आनि मॅळयारी आनन्द जातलॉ.
भीमः हांव खंचेयी कामाक माक्षेना. मगलॅ बल आनि सामर्थ्या मिती माक्का असाध्य अश्शी कार्यीं ना. तुगेली इच्छा निश्चित पूर्ण जात्ली. (Bhima goes in search of the flower, Draupadi exits)
हनुमानः अनुज भीमागेलॅ अहंकाराची चिंता दिस्ता. विचार करनातिलेंची असुरक्षित स्थानारी वत्त आस्स. हाज्जेरी उपायु कोरकाची

Sits on the path blocking Bhima's way with his long tail. In the guise of an old monkey.

भीमः वानर तुगेलॅ बाल बगलेक करी. नाजाल्यारी हांव तॅं थुंटौव्नु काडता.

हनुमानः बाळा मगलॅ बाल मस्त हॉड आस्स. तू तरूण आनी बलवान आस्स चिकेची उब्बारनु बगलेक करी नावॅ दांटुव्नू वच.
भीमः तुगेलॅ बाल किल्लेंयी दीग आस्सॉ. मगलॉ भावू हनुमानानॅ समुद्रलंघन कॅल्लॅ तश्शी हांवयी वच्येद. जाल्यारी सगळयांभित्तरी देव आस्ता. दांटुव्नु वच्चॅ योग्य नयी. हांवची तुगलॅ बाल बगलेक करता.

Tries for a long time, the task seems- impossible to achieve till such point as when he realizes his mistake and identifies Hanuman. Surrenders.

हनुमानः प्रिय अनुज भीम . तुगेलॅ कल्याण जात्लॅं . आनी अश्शी आपणागेल्या शक्तीचेरी गर्व कोरनाका . स्वाभिमान आस्का, अहंकार नयी . कॅद्नायी जरूरी आश्शिलॅ वॅळारी माका उगडासु करी . शत्रु सेनेंतु वच्चुनु तूं कॅद्ना सिंहनाद करतलॉ ताव्वळी हांवयी अर्जुनागलॅ ध्वजारी थाव्नु अश्शी गर्जना दित्तां कि तुगलॅ शत्रुंगेली स्थिति मृतप्राय जातली .

~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar VII**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- हृदयांतु श्रीरामागेलॅ सान्निध्य आस्तनायी परमभक्त रामाञ्जनेयाक, रामागेलॅ प्रत्यक्ष दर्शनाची उत्कंठा आस्ता.
- भविष्यांतु रामस्वरूपांतु दर्शन दिंव्चॅ श्रीरामानॅ ताक्का वचन दिल्लेलॅं.
- श्रीकृष्णावतारांतु वचनपूर्ती कोरचॅ दॅवानॅ येवजलॅं.
- तॅं करतना, इतर भक्तांगेलॅ दोष निवारण कोरूक, रामाञ्जनेयची योग्य साधन, अश्शी दॅवाक इत्याक दिसलॅं?

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Scene VII – Hanuman in Krishna's Dwarka (Virar)**

कृष्णः गरूड, द्वारकेचॅ उपवनांतु एक वानरू आयला. ताक्का चिके धोरनु हाडि. पळॅ, ॲकळयानॅ जायना जाल्यारी सैन्याक घेव्नु वच.

Garuda leaves, while going speaks to himself.

गरूड : एक सामान्य वानरू धोरूक माक्का सैन्य व्हरी म्होणचॅ म्हळयारी कितलॉ होडु अपमानु माक्का. श्रीकृष्णाक मगेली योग्यता इत्तॅं गोत्त्ना वॅ. राब त्या वानराक पुरायि चॅचाव्नु दवरता पळॅ.

Reaches the garden, Hanuman is busy eating fruits while chanting Ramnam.
Garud tries to tell Hanuman to come to the palace.

गरूडः तुक्का द्वारकाधीशानॅ आपयिल्यां

When he doesn't pay heed, Garud tries to take him forcibly. At this Hanuman hits Garud with his tail.

गरूड : श्रीकृष्णानॅ आपयल्यां तुक्का. तॉ साक्षात नारायणूची.
हनुमान : मगलॅ हृदयांतु केवल श्री राम आस्सतना हांव कृष्णालागी कस्ल्याक वच्चु?

Garud returns.

कृष्णः येनै वॅ तॉ? आत्त वापस वच्चुनु सांग कि तुगेलॅ इष्ट श्री रामानॅ आपैल्या .

Garud leaves. Krishna converts to Rama. Satyabhama enters.

सत्यभामाः हॅं खंचॅ रूप धारण केल्यां आजी?

कृष्णः हॅ पळॅ सत्यभामा . त्रेतायुगांतु हनुमानाक दिल्लेलॅ वचन पूर्ण कोरचॉ वेळु आयला . आत रूक्मिणीनॅ आसन ग्रहण करतची हनुमानागेलॅ इच्छेनुसार ताक्का रामसीतेगेलॅ दर्शन जात्लॅं .

सत्यभामाः हं . म्हळयारी सीता जांवच्याक योग्य रूक्मिणी . हांव नयी .

कृष्णः तश्शीची नयी तॅ .

सत्यभामाः तश्शी नयी जाल्यारी आनी कशी . रूप, गुण सर्व विषयांतु हांव श्रेष्ठ आस्तना हॉ मानु तिक्का . माक्का मात्र अपमानु (cries while lamenting)

कृष्णः आरे व्हयी मुगॉ . लक्षांतु येने मगलॅ . तुगेलॅ इद्दुर रूक्मिणी कोणी . सीता जांवचॉ अधिकारू तुगेलॉची . वच . वग्गवग्गी सीता जांवनु यॉ पळवयां . आनी वत्तना महाद्वारारी रक्षण करतल्या सुदर्शन चक्काक पेटयी .

Chakra enters

कृष्णः हॅ पळॅ उपवनांतु एक वानर आयला . इत्तॅ जाल्यारी ताका भित्तरी सोण्णाका .
Chakra exits. Says to himself

चक्रः श्रीकृष्णाक मज्जेरी आनी मगेल्या शक्तिचेरी आस्स तितलॉ कॉणाचेरी विश्वास ना . त्या वानरागेलॅ ग्राचार सम आसल्यारी तॉ महाद्वारादिक्कानॅ यॅश्ना आजि .

Garud in garden. Again invites Hanuman-from a distance.

गरूड ः श्रीरामानॅ आपयल्यां तुक्का . मज्जॅ सांगातीची आयल्यारी बरॅ . वग्गी पांवच्याक जात्लॅं .

हनुमानः श्रीरामानॅ आपयल्यां . अहोभाग्य . त्रेता युगांतु दिल्लेलॅ वचन सिद्ध जाल्लॅ .
(At once leaves)

गरूडः (to self) मज्जॅ पैलॅ कशी पाव्ता म्हळळेलॅ . वॉचॉ तॅकडॅ. ताज्जे पैलेची पावया म्हळयारी दॅवाक कळतलॅ कॉण श्रेष्ठ म्हुणु.

Hanuman is stopped by Chakra from entering the interior of the palace.

चक्रः तुक्का भित्तरी वच्चुक अनुमती ना.
हनुमानः तूं दॅवागेलॅ दर्शनांतु विघ्न हाडत आस्स (overpowers him)
Hanuman enters the palace where he sees Krishna in Rama swaroop.
हनुमानः हे प्रभो ! प्रणाम. (Seeing Satyabhama in place of Rukmini reacts.)
माता सीता खंयी आस्स? तिगेल्या जाग्यारी ॲक दासीक कस्ल्याक बसैल्यां ?
(Embarrassed Satyabhama gets up, Rukmini occupies her place. Garuda and Chakra enter panting , realizing the whole purpose of Krishna's plan)
हे प्रभो, हे माते, एक युग प्रतिक्षे उप्रांतॅ मगली इच्छापूर्ति जाल्ली. हांव धन्य जाल्लॉ.

~~~~~~~~ ########## ~~~~~~~~
~~~~~~~~

**Sutradhar (Conclusion)**

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

- दॅवागेलॉ आदर्श सेवक आश्शिल्या रामाञ्जनेयागेली भक्ति केल्यारी ती श्रीरामाक पावता ॰
- संकटमोचन रामाञ्जनेय युगानुयुगं भक्तांगेलॅ रक्षणाक सिद्ध जाव्नु आस्स ॰
- श्रीचित्रापुर मठाचॅ राजांगणांतु विराजमान, श्रीरामञ्जनेयागेलॅ कृपाकटाक्षांतु, समाज सुरक्षित आस्स ॰
- तागेलॅ प्रेरणेनॅ, निरन्तर गुरूसेवेंतु राब्बुनु, आमका जीवनाची ध्येयप्राप्ति साध्य जावॉ हीची आमगेली प्रार्थना ॰

एकाग्र चित्त हृदयांतु राम
रामाञ्जनेय भक्त महान

**Conclusion (Grant Road)**

खंचेयी काम आत्त कश्शी
गॉमटायेरी जात्ता
लूटी मस्ती कोरूक सुद्दांयी
मस्त वेळु मॅळता
जीवनाची गाडी कॅद्नायी
सुरूत मार्गारी वत्ता
जल्यारी वाऽनर आमका इत्या देक्कुक पण्णा ?

आम्मा पप्पा डॉक्टर टीचर
कॉणयी गौजी घालना
इतल्या तितल्याक भिंवचॅ रडचॅं
आत्त कॅद्नायी जायना
नीद जॅवण अभ्यास खेळू
खंचातुयी जायना घोळू
प्रार्थनेचॅ क्लासाक हांव
चुक्कनातिलॅं वत्तां
जल्यारी वाऽनर आमका इत्या देक्कुक पण्णा ?

ः ए खरेंची आमगेलीं वानरं खंयी गेल्लीं ?
ः विस्सरलॉ(ली) वॅ ? मंगण्णालाग्गी आस्सती नवॅ ?
ः तॉ पळॅ मदारी. ताक्का निमगुव्यां .
ः मंगण्णा खंयी
मदारी ः गोत्ला वॅ तुमका ? यय्याती मज्जॅसांगाति

All leave. Black out. On the backdrop a large picture (slide) of Ramanjaneya (exact graphic to be finalised) appears. OR Hanuman showing Ram's presence in heart (from scene V) will sit on the level. All the vanars are seen prostrating in front of the picture / Hanuman. एकाग्र चित्त हृदयांतु राम , रामाञ्जनेय भक्त महान in the background- starting at a low volume increases with light, gradually the children also enter stage, and finally the vanaras get up, turn and meet the children. All dance and sing joyfully.

~~~~~~~~ ######### ~~~~~~~~
~~~~~~~~